खाचक्यां-करंड

कोंकणी कवनां



शांताराम वि. कामत
कारवार.

खाचक्यां-करंड

कोंकणी कवनां

घडौपी:

शांताराम विठ्ठल कामत, बी. ए, कारवार.

सरकारी इंग्लेज साळेचे

सेवानिवृत्त मुख्याध्यापक

१९४८

छापपी:

शी. ए. शेख, महंमडन छापखान्याचो धनी, कारवार.

उजवाडावपी:

मुजुमदार आनी कसबेकर बंधू, कारवार.

Reprinted in 2011
Names of Printer & Publishers printed above are just for historical importance only.

मांडावळ


ोन शब्द..............


कै. शांताराम विठ्ठल कामत (आमगेलो बापूय) हांगेलो ो काव्यसंग्रह ही रसाळ कवनां प्रासादिक भाषेत आसात. हो संग्रह ांणीं १९४८ तं छापिल्लो. त्या वेळार तांगेले वय ५७ वर्सां आशील्ले. ांवें स्वता ही कवना खेड्यां पाड्यांनी म्हण्ण दाखयिल्ली. लोकांनीं ाका बरेंच प्रोत्साहन दिल्लें. हीं गोड पदां ''खाचक्या करंड'' हें नाव ार्थ ठरयतात. रसिकांल्या तोंडात ही कवनां कायमचीच घोळत रावूत हण मगेलो चलो रोहित हाणें हो संग्रह परत छापून घेवचें ठरयलें. तागलो र्ममित्र श्री. संजय शानभाग हाणें ताका बहुमोल मदत केली. मगेले ोन होड भाव श्री. जयवंत आनी श्री. प्रभाकर हांणीं या उपक्रमाक ुभेच्छा दिल्यात. ही दुसरी आवृत्ति ६२ वर्सांन उजवाडाक हाडच्याक ारवारच्या सिंडिकेट बँकान बहुमोल मदत केली. तांगेले मना पासून आभार, त्याबद्दल श्री के. टी. राय, उप महाप्रबंधक हांगेली आमी कायम याद दवरतले. तुमी ही आमगेली अल्प सेवा गोड मानून घेवची.

तुमचें बरें मागून ....

ारवार
२६ जानेवरी २०११

तुमगेलो
माधव शांताराम कामत





Birth : 25th Dec.1891
Death : 11th Dec. 1978

Poet	:	Late Shri **Shantaram Vithal Kamat**
Present Publisher	:	Shri **Madhav Shantaram Kamat,** M.A., M.Ed. Rtd, Principal, Govt. Shri Marikamba Junior College, Sirsi 'Ram-Sita', 1001, Ashram Road, Karwar - 581 301. Tel (08382) 227407
Coordinator for 2nd Editon	:	**Rohit Madhav Kamat,** B.Com. rmkamat@gmail.com
First Edition	:	1948
Second Edition	:	2011 (1,000 Copies)
Front-page concept	:	Ar.(Mrs.) **Saumya S. Shanbhag,** Karwar Architect, Interior Designer & Vastu Consultant Tel. (08382) 221444 / 9449893044 saumya_shanbhag@rediffmail.com.
Front-page painting and inside caricatures	:	CA. **Sanjay S. Shanbhag** B.Com.,FCA,DISA(ICAI) 1203, Brahman Galli, Karwar - 581301. Tel. (08382) 221444 / 9482186744 sanjay_s_shanbhag@yahoo.co.in
Karwar Photographs of the year 1956 collected from	:	Silver Jubilee Souvenir of Syndicate Bank, Karwar Br. (Source : Shanbhag Archives)
Photographs of the year 2010	:	**Pandurang Harikantra**

Price : ₹ 30 (Thirty Rupees only)

Printed at Mahalasa Printing Press, 1232, Maruti Galli, Karwar - 581301 by Chandrakant Mandieka
Tel. (08382) 227492, 9342781014

Mr. Shantaram V. Kamat, B.A., S.T.C.D.

(25th Dec. 1891 to 11th Dec. 1978)

All about the poet......

He was popularly known as *Kamat master* and right from the student days in college also he was having his penchant for literature and he stood first in district level essay competition and got many prizes. He was B.A. with science (as was the case in those days) and taught science to students for nearly 25 years in the Govt. High School, Karwar. He was a scholar in both Sanskrit and Marathi even as he sailed smoothly through with his command over flowery English language also. He contributed many articles to the then famous magazine "Teaching" and his essays were held in high esteem. He occasionally contributed to various Marathi magazines also in the form of poems. Though primarily he loved Marathi very much, his love for his mother tongue Konkani never diminished. He was very much influenced by the then famous Konkani writer "Shenoy Goenbab" (Vaman Raghunath Varde-Walavalikar) and that made him write articles and particularly poems in Konkani. He retired as the Head Master of Govt. High School, Karwar in 1946. This multifaceted popular science teacher with a poet's and writer's bent of mind, assumed the chair of the president of the Karwar Education Society as the second President from 24th March,1959 to 4th Sept.,1964 (managing Hindu High School and other sister schools in Karwar) and here also took strains to improvise the administration.

Even as God had been kind in showering many traits on him, He made his life-time also an example of national integration. Because, a Hindu by religion, he was born on the Christmas Day in 1891 and demised on "Moharrum" day on 11th Dec. 1978......

(As told by the poet's son Madhav Shantaram Kamat to Sanjay S. Shanbhag.)

******

Preface to the second edition

This booklet has been printed 'as-it-is' as a scanned version to have the ethnic look even upto the letter-press fonts. The advertisements (except Syndicate Bank that existed then also though by a different lengthy name and is a sponsor now also) and names of printers and publishers have also been kept untouched though many of them have ceased to exist. Not just that even the errata (printing mistake list) page has also been printed though the mistakes have already been rectified in this print for a correct reading. To make it have a grand look the front-page is added with a hand painting of the Box of Eatables (the meaning of the book-title) and spruced-up with caricatures on certain song-themes inside. The collection of photographs of Karwar city of the year 1956 and of the present year (i.e. 2011) has been added for an informative viewing.

We hope that you will enjoy the journey through this book...........

Karwar
26th January 2011

Publisher

दोन उतरां

ह्या कवनांपैकीं अर्धां-अदीक कवनां मेकळया पत्रिकांच्या रुपान पैलींच उजवाडायिल्लीं. तीं त्या त्या प्रसंगार तयार केल्लीं आनी समारंभांत ह्मण दाकंयिल्लीं. त्या त्या वेळार जनसमुदायाचेर तांचो जो परिणाम जालो, ताजेवैल्यान तीं ताका भोव मानलींशें दिसलें. तशेंच मत्त बऱ्याच इष्टांनीं मजेकडेन सांगून हीं सगळीं कवनां एक पुस्तकरुपान छापलीं जाल्यार दवरूंक बरें जायत ह्मण सुचंयलें. देखून तशें करचें थारायलें.

हीं कवनां कोंकणींत कित्याक रचंयलीं? मूठभर कोंकण्यांखातीर हे कष्ट घवच्यापरस तींच मराठींत जंर रचताशिल्लें तंर तुमकां नांव आनी पैसो हीं दोनूय मेळटाशिल्लीं अशें कांय लोक सांगतात. पुण हीं गितां नांवाखातीरूय केलीं नात आनी पैशाखातीरूय उजवाडायलीं नात. खरें ह्मळयार इतले दीस हांवें ह्या नादान (मज्या तांकीच्या मानान) बरीच लुकसाण कर्न घेतल्या. हें पुस्तक छापिल्लथान ती आनीकूय वाडतली-शें दिसता.

तंर हो वावर हांवें कित्याक केलो? ह्या उतार वयांत कवीत करची वानसा माका कित्याक जाली? तंर ज्या कोंकणांत मजो जल्म जालो, आनी ज्या खेडेगावांत हांव ल्हानाचो व्हड जालों, त्या देशाचें रीण थोडेंभोव फारीग करची बुद्द देवान दिली ह्मण. त्या लोकांक मराठी येना; कानडी कळना. तांकां तांगेल्या भाशेंत शिकंयनात, आनी परक्या भाशेंचि गोडी तांकां लागना. देखून बरपी वेव्हार आनी ताजेपासून मेळचो फायदो आनी आनंद तांकां चुकता जरी एकाद्या मनशान एकाद्रें मराठी किंवा कानडी पद ह्मळें तरी तें फक्कत ताळयाच्या गोडये-खातीर. ताजो अर्थ तांकां सारको कळना. खरी पदांची गोडी कशी ती तांणीं जल्मांत चोखली ना. ‘आधींऽऽ बिज एकलें’ हें सिनेमांतलें

पद लांब लांब हेले काण्ण त्या निरक्षरी लोकांनीं म्हळ्ळें हांत्रें आयकलें तेन्नां माका दिसलें कीं तांका कोंकणींतच पदां म्हणूंक मेळ्ळीं जाल्यार कितलें बरें जायत? ' कशि कन् घाल्लूं गेण ' हें नमुन्याखातीर केल्लें पद आज कारवार भोंवतणच्या खेड्यांत प्रत्येकल्याक येता, निदान ताणें आयकलां, अशें म्हळ्यार अतिताय जावची ना. तातूंतल्या वळी-वळींत तांगेलच अणभव तांगेल्याच भाशेंत सांगल्यात जाल्ल्यान तें तांच्या बोंबलेच्या देंटापर्यंत पावता. ह्याजेंवेल्यान उमेद येवन हावें आनीक पदां केलीं. तीं सगळींच तांका सारकींच मानतीत अशें सांगूं नज. कारण लोकालीं मनां वळच्याक तांचेवांगडा वास कर्न तांगेल्या सुखदुःखांत भिजून गेल्लो मनीस जाय. शिवाय ह्या पदांचो हेत निखटें मनरंजन करचें इतलोच ना. मजें क्यूर बी त्या कामाक फात्रो-शें ना. तांचो मुखेल हेत उपदेस. तातूंत भावनापरस विचारच चड आसात. लोकांक उपदेस वकदावरी कोड्डू लागता खैं. पुण कवीलें काम हें कोडू वकद ' कांता सम्मिततया ' म्हळ्यार बायलेन केल्ल्या उपदेसावरी गोड कर्न फुसलावन पिवंयचें आसा. ह्या गितांत हें काम खंयसर सादलां हें पळोवचें काम वाचप्यालें.

ज्या कोंकणी लोकांक हेर भाशांचीं खरीं गोडी लागल्या, तातूंतलीं कवनां वाचून ज्यांची मनां फुलतात आनी माथीं घोलतात, तांका ह्या कवनांची गरज ना जावये. पुण तीं वाचलीं म्हण तांका लुकसाण जावचां ना. एकापरस चड परकयो भासो प्रयास घेवन शिकचें जंय फायद्याचें आसा म्हण्टात, थंय आपशींच येवच्या आपणाल्या आवभाशेंतल्यां बरपां वाचिल्लयान कितलोसो तोटो जायत? एक खिणभर तरी आपणालें पांडित्य आनी व्हडपण विसर्न आपल्या भोंवतणच्या गरीब लोकांत भरसून वचचो आनंद भोगा, अशी मगेली तांचेकडेन नम्रतायेचि मागणी.

कोंकणीच्या फुडारासंबंधान जायत्या लोकाल्या मनांत दुभाव आसा. चाळीस वर्सांफाटी मराठी संबंधान असलोच अनमान करतल्या मराठ्यांक कवी मोगरे हांणीं जो प्रस्न विचारलो तोच आज असल्या कोंकण्यांक विचारये.

"ह्मणतात जे मराठी भाषा होणार ही असे नष्ट
मिळणार काय करुनी व्यर्थ हिला वांचवावया कष्ट
त्यांनां हेंच पुसा कीं मरणोन्मुख होय आपुली माय
ह्मणुनी तत्पुत्रांहीं औषध देऊं नये तिला काय?"

असलें अमंगळ भविष्य खरें जातलें अशें धर्न चलचें कोंकणीच्या पुतांक तरी सोबना. दुसऱ्या खैंच्याय भाशेपरस आपणाल्या रुपान आनी गुणान आपणाल्या संस्कृत आवैली पावलाकणकणी याद कर्न दितली तिगेली प्रतिमाच अशी जी कोंकणी भास, जी आज शेंकड्यांनी वर्सां जायत्या संकष्टांक झूज दिवन तगून रावल्या, ती केन्नाच मरूंक फावना. आनी ह्या साक्षरता-प्रसाराच्या दिसांत जर कोंकणी लोक आपापसांतले लेखी वेव्हार कोंकणींतच करूंक लागतीत, तर ती भास मरची ना इतलेंच न्हंय, तर त्या समाजांतल्यान असली सरस्पत निर्माण जातली कीं, ती संजीवनीवरी त्या भाशेक आनी समाजाक वैर हाडतली. ह्या दिशेन जाता तितले यत्न करचें प्रत्येक कोंकण्यालें कर्तव्य आसा.

मराठीन वेडायिल्ल्या उत्तर-कोंकण्यांक आनी कानडी किंवा तामीळ भाशेन वेडायिल्ल्या दक्षिण-कोंकण्यांक जोडचो दुवो सद्यांतरी कोंकणी-शिवाय दुसरो ना. कोंकणी सोडली तर तांगेलो संबंध तुटून तांगेली संस्कृताय नाश पावतली. कोंकणीच्या वाटेनच गोंयच्या किरिस्तावांच्या आनी हिंदूंच्या मदलो पुरातन संबंध घट्ट जायत आनी तांचो एक बळिष्ट समाज जायत.

ज्या विद्वानांक कोंकणी भास स्वतंत्र नासून ती मराठीचीच एक 'बोली' अशें दिसता तांका मगेली सांगणी इतलीच कीं, तुमगेली ह्मणणी खरी मानली तरीय त्या बोलींत बरौनयो वा सरस्वत रचौनयो अशें कांय ना. आज काल बरप्यांल्या मनाची वंड जाता तितली सोपी आनी लोकांल्या सदांच्या वेव्हारांतली भास वापरचेकडेन आसा. हें आमगेलें काम त्या वडीक अनसरूनच जातलें. तशें केल्यान मराठी-कोंकणी भास दुबळी जायनासतनां चड गिरेस्त जातली. कोंकणी लोक मराठी शिकत्‌-लेच; तशेंच मराठी लोकांनीं कोंकणी पुस्तकां वाचचो सरांव दवरल्यार तांकां तांगेली मराठी-चड कर्न मराठी कविता आनी पुर्विल्ली सरस्पत-समजूंक वंड ससार जातली. कारण कोंकणींत अशीं शेंकड्यांनीं उतरां आनी कुपां (प्रत्ययां) आसात कीं तीं पोरण्या मराठी भाशेंत दिष्टी पडतात. कोंकणी लोकांनीं मराठीक आपली ह्मणका जाल्यार मराठी लोकांनींय कोंकणीक आपली ह्मळ्यारच तें सादत. कोंकणी उतरांचो तिरस्कार करतल्या गर्विष्ट मराठ्यांक ' बिनशर्त शरण-चीट ' दी-सारके कोंकणी भास वा कोंकणी लोक दुबळे नात.

ताज्या बराबर मराठ्यांच्या रागान कर्णाटकांत घुसूं पळैतल्या कोंकण्यांकूय एक इशारो दिवची गरज दिसता मराठी आनी कोंकणी कितल्योय जाल्यो तरी भैणी-भैणी; एकच आवैल्यो दोगी धुवो. त्यो वेगवेगळ्यो मानल्यो ह्मण तांचे बदलें रगताचें नातें ना जायत? ' कोंकणी मराठी पासून सामकी वेगळी; तेन्नां तुमकां मराठी कितें कानडी कितें?" अशें ह्मण्टल्या कानड्यांल्या काव्याक [illegible] भास शिकची जाल्यार अगदींच परकी, शिकतनां [illegible] भुरग्यांची जीव काडटली अशी कानडी बरी, की अगदींच थोडया [illegible] येवची, आमगेल्याच कुटुंबांतली आनी पूर्वापार रिणानबंधाची मराठी बरी? " मराठ्यांत

गेल्ले कोंकणे कोंकणी विसरतात; पुण कर्णाटकांत गेल्ले कोंकणे कोंकणीक घट्ट धर्न आसात. देखून कोंकणीक वांचौंच्याखातीर आमी कर्णाटकांत घुसयां. " अशें ह्मणचें ह्मळयार हुंदरा–जाळान घराक उजो लावच्यासारकेंच न्हंय? कोंकण–प्रांत वेगळो करचें शक्य जायना जाल्यार कारवार मेरेनच्या उत्तर कोंकण्यांक तरी कर्णाटकापरस महाराष्ट्रांत घुसचें (भाशे-च्या नदरेन पळेल्यार) बरें. कोंकणी उलैतल्या लोकांलो उपप्रांत जाल्यार करयेत. फाटी लोकांतल्यान फुट्टुन वतले थोडे शिकिल्ले कोंकणे मरा–ठ्यांत भरसून गेले ह्मण आयच्या दिसांत सबंध कोंकणी समाज आपणाली भास विसरत हें शक्य दिसना. तशें जालेंच जाल्यार कोकणी भास वेगळी न्हंय; तिज्यांत वेगळो संसार मांडची तांक ना, हेंच तांजे वैल्यान सिद्ध जायत. तशें जावन समाजाचो समाजच जर मराठे-मय जालो तर कोण कोणाक रडतलो?

कोंकणीच्या वाडीक आडमेळे

कोकणी भाशेच्या वाडीक मुखेल आडमेळे आसात ते दोन. गांवां–कणकणी आनी जातीकणकणी उरच्यो गांवगारी तरा; आनी वेगवेगळयो लिपयो.

शणै गोंयबाबांनीं एक तरा घालन दिल्या. ती घालूंक तांणीं भोव कष्ट आनी वेळ खर्चील्यात. हाजेखातीर आमी तांच्या फारीग जायनासारक्या रिणांत जरी आसले, तरी तातूंत कांयच अतर करूं नजो अशें ना. खैंचीय भास जाय तितली एकरूप जाल्याबगर वाडीक लागना हें खरें; पुण ही एकरूपताय बळजबरेन करूंक गेल्यार जायना. शेकानशेक पातळिल्या भाशेची वाड अमुकच तरेन जावका असो आग्रो एकदोगांनीं धरल्यार ती सर्व–मान्य जायना जावन भाशेच्या वाडीक आडमेळो

येत. देखून बरप्यांनी जाता तितलें कर्न शणै गोंयबाबांल्या तरेक मान दिवचो. पुण हेर तरेन बरयिल्लीं बरपांय वाचप्यांनी मुजरत घाचचीं. मागीर तातूंत जो बरो भाग आसा तो हळूहळू सर्वमान्य जातलो.

दुसरो आडमेळो लिपीचो. सद्यां कोंकणी भास चड कर्न किरिस्तांव लोक रोमी लिपींत बर्यतात हेर लोक नागरी, कानडी किंवा उर्दु लिपींत बर्यतात. पुण एक लिपी जाल्याबगर एकल्यान बरयिल्लें दुसऱ्याक वाचूं येना जाल्ल्यान कोंकणीची वाड जयतशी जायना. पुण कोंकणीची खरेली लिपी नागरी हें आतां सगळयांनी मान्य केलां. कोंकणी संस्कृताचि धू जाल्ल्यान आनी देश-भास जी हिंदुस्थानी तिजी लिंपी नागरी जाल्ल्यान वेली मोन्यताय योग्य आनी फायदेशीर आसा. पुण सगळ्या लोकांनी नागरी शिकल्याबगर हाजो उपयोग ना. लोकांक वाचूंक येना तर पुस्तकां खपतलीं कशीं ? आनी पुस्तकां खपनात जाल्यार बरपी बर्यतले कित्याक ? देखून सगळथा कोंकण्यांनीं, चड कर्न आमगेल्या किरिस्तांव भावांनीं, जाता तितले बेगीं नागरी लिपी शिकची-आनी ,त्या लिपींतलीं पुस्तकां घेवन वाचचीं, अशी विनंती.

कवितांतले उच्चार

जांकां मराठी वाचची सवंय आसा ते कोंकणी वाचतानां अडखळटात. हो अडखळो कविता वाचतानां चड जाता. कारण, कोंकणींतले जायते उच्चार मराठींत नात. मराठींतूय गद्यांतल्या (उलोण्यांतल्या) सारके उच्चार पद्यांत करनात. देखीक, उलौपांत 'घर' 'मनांत' हांच्या अखेरच्या अ चो आनी 'वाचतों' हाज्या मदल्या अ चो उच्चार करच्चनात, 'धावत' असल्या उतरांतल्या मदल्या अ चो उच्चार लांबोडो (दीर्घ) जाता. पुण कवितेंत अ चो उच्चार नेमान मोडबोच (ऱ्हस्व) करतात. अशें जाल्ल्यान गद्य-पद्यांतल्या उच्चारांत भेद जावन कविता कृत्रीम

दिसता, आनी तिजो परिणाम मनाचेर जाय तसो जायना. देखून पोवा-ड्यासारक्या जिवंत कवितेंत उलौपावरीच उच्चार करचो रिवाज सुरू जाला. कोंकणी भास तर आजपर्यंत तोंडीच आशिल्ल्यान आनी तिजो उपयोग बहुजन-समाजाखातीरूच जाल्ल्यान तातूंत तोच प्रधात घेवचो पडला. देखून हीं कवनां वाचतानां शब्दांचे उच्चार उलौपावरीच करचे. देखीक, 'आवैलो उलो' तल्या इकराव्या कडव्याची दुसरी वळ

'भाकेखातीर् चाकी मेळौंक् कानडील् पांय् धर्ले'

अशी वाचची. तशेंच कोंकणींत आ, ओ, ओ, ह्या स्वरांचो उच्चार जायते पटी, चड कर्न उतरांच्या सुरवेक मोडवो (=ह्रस्व) जाता. देखून 'दुको' तल्या पैल्या कडव्यांतली दुसरी वळ

'ताज्या आंगार शुळयांचो फार, कोणें तरी केलो'

ह्यातूंतल्या 'तां, आं, चो, को' ह्यांचो उच्चार मोडवो करचो. असले आनीकय अडखळे उरतीत. वट्टार, उलौपांतल्यावरी आनी चंड कर्न तळ्यां जमसारके उच्चार करचे हेंच अखेरचें सांगप.

कारवार,

दिवाळी,

आश्वीन व. १४, शके १८७०

(ता. ३१-१०-४८)

शां. वि. कामत.

आचार्य रामचंद्र शंकर नायक,
पणजेचे 'इस्कोल नॉर्मा' चे प्राध्यापक, हांगेलो अभिप्राय:

“ ज्ञानेश्वरी बरयतंक घेतल्ली तेन्ना ‘अमृताकेंनूय पैजो जिकतील’ अशीं अक्षरां आपुण गुंथीन अशो अभिमान ज्ञानेश्वरांनी उल्लेख दाखयल्लो तो कसल्या बळार ? तांकां कितें संस्कृत भास लोकांल्या लेव्हारांच्या भाशेपरस संस्कारांनीं वळिष्ट आसा हाचीपावी खबर नाशिल्ली ? तर तांणीं बरें वळखिल्लें कि ‘बोलां’ ची व्हडपण जोखता ती बुद्द, पूण भोगसाण चाखता तें मन. बुद्धीच्या घरच्यान शिकिल्ल्या अणभवांचो रोस मनाच्या कोळंबेंत येता, आनी घंय आमी ताचो रूप घेता. हे अणभव जागेच्या लागिल्या वेव्हारांतल्यान येतात. देखून वेव्हारांची भास ती खरी मनाची भास. तेच भाशेतल्यान त्या बोलांची रसाळताय मन वा मनीस करांक जाता.

तुमगेल्यो कवनां वाचून वा वाचिल्लीं आयकून कोंकणी मन कशें हांसता वा भुलता आनी तातूंतलो रोस चाखूक तांच्या “ थांबाक करयो जियो फुटतात ” हाचो हांवें अणभव घेवन पळेला. तरणाट्या विद्यार्थ्यांच्या तपशिल्लांतल्यान तुमच्या प्रतिभेचो निर्मळ झरो लोकहिताच्या तळ्या- कडेनी व्हांवता आनी अंतःकरणांक शांतवता. म्हाका विस्वास दिसता कि, तुमगेल्या मनाचें फावो—यो रूप आस्वादक केन्नाच रावचें ना. ”

रा. शं. नायक.





आवैलो उलो

उटा उटा रे, जागे जाया, दोळे उगडा, या;
आवै तुमची मरच्या पडल्या; तीका वांचया. १
मुंबैपासुन कोचीमेरेन कोंकणपट्टींत
क्रिस्तांव हिंदू मुस्लिम बंधू रावतात गट्टींत २
त्या सगळ्यांलें पालन केलें कोंकणी आवैन
आंगावैलें दूद पाजयलें अपुरबायेन ३
'कुरकुर कानां ह्मशी रानां' असल्या गीतांनीं
पाळण्यांत घालून झोपै काण्ण नीदयता कोण? ४
'वाऱ्या वाऱ्या धांवुन यो रे आंबे पाडंय रे'
गाणीं गाऊन आंबे दीऊन सावळेंत नाचयलें ५
दळतां कांडतां लुंयतां मळतां शेंकडो पदांनीं
बायलो दाल्ले कष्ट जाल्ले वतात वीसर्न ६
ग्यादो तर अपरंपार दवल्यांत कर्न
तत्वज्ञान—अनुभवान भरल्यात ज्यो पूर्ण ७
भोळी आमची गरीब आवै भरल्या मायेन
साधीं तीजीं उतरां लागतात गोड्ड गायन ८
आवै ह्मणच्याक लज्जा दिसता तीज्या पूतांक
पुतांल्या खेदान तोंड दाकयना आवै लोकांक ९
कुळदीपक हे असले पूत आवैक वीसर्ले
मराठि मावशीगेलो डौल पळौन पिशार पडले १०

जायतें भायल्या शेजाशीच्या काव्याक वेळि पडलें
भाकरेखातीर चाकरी मेळौंक कानडीचे पाय धरले १
गुलाम जाले बेकुन नाचले परक्यांक, जोडार
शेणाच्या आँवेक सुटौन दीलें उडयावान्यार १
देकून रावली कोंकणी आवै अजून गरीब
अपुरबुद सुगी तीजें फुटकें नशीब १
तीच्या आंगार धड भेस दिसना खुगट
मांगर केवें ? जालें तीजें जीणें फुकट १
राजाश्रय ना लोकाश्रय ना असल्या थोळ्यांत
ती सांपडला जीव घर्ने राव्हल्या गळ्यांत १
देकून तीजीं चोरडां रावचीं सदाच परदेशी
शेजाचीलयां लोंडाकडे पळल कपाशी १
आमच्या आँवेक आमी छोडविक दीना जाल्यार
भायल्यांकडच्यान भींमान मेळचो मरणाळ्यार १
जो तो आतां आमगेर घुसता आपणालें घर म्हणता
कुरकुर केल्यार मारता घोल्यार राक देवा आतां १

x x x

आवशीवरी मावशी बरी कशी पोसल
कानडीसारकी शेजाल परकी किल्ला खोलल १
आवशीक मरूं दिवशात तर मावशी पोसची ना
शेजाल पूराय गिळल्याशीवाय केन्ना रावची ना २

तेल उदाक एक पेल्यांत कशीं मेळटीत
गाय आनि वाग एक गोठ्यांत कशीं खेळटीत २१

x x x

देशी भाशेंत कोंकणी खबरो सांगच्या जायनात
सृष्टी साज रीतरिवाज हांगचें वेगळेच २२
खाडी होडी कळकी-झाडी घांटार आसनात
भातां–शेतां नाल्ला–भाटां फोपळां दिसनात २३
वोंवळां कांदलां सोबित सुरंगां आबोले फूलां
फोगां मिरंडां चारां चुन्नां बिंबलां करमळां २४
उकड्या पेज वाळी-भाजी घाळणें घातिल्ली
शीतावांगडा बांगड्यां-कडी सुगटां भाजिल्लीं २५
परक्या भाशेंत करच्या जायना हांचें वर्णन
हांकां सोडुन दिवचें झाल्यार आमचें मरण २६
आमच्या लोकांलें जीवनचित्र आमच्या भाशेंत
आमच्या बरप्यान काढल्यार मात्र सारकें उतरत २७
परकीयांल्या वैभवान दोळें दिपकून
आपल्या घरचें विसर्न वचचें पीशां लक्षण २८
लोकांलें वैभव आपलें जायना किल्लेंय नाचल्यार
खिरेच्या पायसाक घरच्या येना आंबलीची सर २९
पुस्तकांतल्यान शिकिल्लि भास खैं खैं पावतली
जायांच्या भांगरान भरिल्लि बाय केदोळ सोबतली ३०

परभाशेची खाशी गोडी केन्नाय कळना
मोमो पिवचें सूख बाळाक बाटलेन मेळना ३१
आपल्या मनशांक परक्या भाशेंत पत्रां घालतात
आपल्या चोरडांक परक्या भाशेंत उलौंक लायतात ३२
आपल्या लोकांत परक्या भाशेंत भाषण करतात
आपल्या समाजाचो गळो दाबून धरतात ३३

x x x

खबरो सांगतात, बूकां वाचतात, गाणीं गायतात
सगळे वाटेन वाड जाता बाकी लोकांत ३४
आमकां मात्र शिकयनात आमचे भाशेंत
सगळे लोक करतात शोक काळका—रातींत ३५
घोकुन घोकुन कानडी शिकल्यार तोंडार बसना
कानडीगेली गोडी आमकां थोडीय लागना ३६
ज्या गांवांत केन्ना येना कानडी कानार
त्या लोकांक कानडी शीक म्हणचें हें गैर ३७
अत्याचार हो आमचेर आमच्या घरांत
आनिक चार दीस चल्ल्यार अनर्थ करत ३८
लोकांलिं चोरडां हांसत खेळत बरप शिकतात
आमचीं मात्र वाचच्या सांगल्यार कित्याक रडतात ३९
पेडज शाक दूडद ताक कित्याक मागतात
कोडू वकद कोलदांड्यान कित्याक घालतात ४०

कानडी कळणा मराठि येना सारकें ऊलैंक
सभेक गेल्यार लाऽज दिसता तोंऽड उगडूंक ४१
विद्या गेली बुद्धी गेली अनुभव फूकट
भाशेवीण सगळें गेलें ऊज्या–रान्नींत ४२
जरी कोणी परक्या भाशेंत भाषण करतात
हेंगाडिं उतरां तांचीं आयकुन जाणटे हांसतात ४३
तातूंत जरी धैर्यान केलो असलो आटाम
तांगेलें भाषण लोकांक जाता रानांतलो पावस ४४
लोकांक कांयीं सांगचें आसल्यार सारकें समजाय।
पांडित्याचें प्रदर्शन करचें थांबंया ४५
समाजाची सेवा जर करची आसत
समाजाची भाषा सोडुन कशें चलत ४६
लोकच देव लोकच राजा लोकच सरकार
सरकाराले सगळे नोकर लोकांखातीर ४७
अधिकाऱ्यांनीं जनपद-भाषा ऊलौची रीत
आमच्या देशांत माऽत्र घडता सगळें विपरीत ४८

x x x

भाषा शिकपांत सगळें सरलें आमचें आयुष्य
दुसरे धंदे खैंचान करता मागीर मनुष्य ४९
न्हंयेपेल्लें भटपण केल्लें आगल्या भटान
दक्षीणेचे पैसे सरले तारीक खर्चून ५०

घांटावैलें शेत आडैलें कोंकणी कुळंब्यान
पावतापासुन जोत मेलें वाटेर थकून ५१
तारवैली कसरत–शैली सादना सगळ्यांक
बोडार वंजे धांवता कशें शर्यत जिकच्याक ५२
परक्या भाशेंत सगळे बेव्हार करचे पडतात
ते दुर्दैवी सगळ्या कामांत फाटीं उरतात ५३

x x x

मराठीचें पंचपक्वान्न आंगा लागना
द्राविडीचें कोडू वकद जीबा सोसना ५४
देकून सगळे लागा कोंकणींत कलैंक बरौंक
सगळ्या लोकांक पेऽज मेळटा पोटा भूकेक ५५
दुष्काळांतल्या कंगालांक पैलें वांचौयां
पक्वान्नां बी दीवून तांकां मागीर नाचौयां ५६
बरपी नाका वाचपी नाका कागदां पत्रांक
कार्कूनाच्या लावचो नाका पैसो हाताक ५७
कोणाक पायां पडचें नाका चीट बरौंक
पंद्रा दीसांत सगळें शिकया आपल्या हातांक ५८
गांवोनगांव कोंकणी साळो सुरू करया
ज्ञान–गंगा सगळ्यांगेल्या घरा पावया ५९
काणयो सांगा गांणीं करा नाटकां रचया
आमच्या लोकांल्या संसाराचीं चित्रां रेखया ६०

वर्तमान-पत्रां काडा आमच्या भाशेंत
संसाराच्यो खबरो धाडा घरानघरांत ६१
आपोआप झपाझप विद्या वाडतली
सगळ्या जनाक खिणाभीतर शाणे करतली ६२
घरोनघर वक्ते वीर बरपी पिकतले
शीवाजील्या मावळ्यांवरी राज्य जिकतले ६३
आवैभास उत्कर्षाची प्रेरक शक्तीच
उत्साहाची स्वातंत्र्याची दिव्य स्फूर्तीच ६४
आवैभास संस्कृतीचें सुवर्ण—मंदीर
आवैभास संसाराच्या सुखांक आधार ६५
आवैभास समाजाचो प्राणाचो श्वास
आवैभास गेली जाल्यार सगळें खलास ६६
आवैभास गेल्लो देश मरच्या वेळ नाका
विद्या कला कीर्ती हांची खबर काण्गाका ६७
देकुन सांगतां मागुन घेतां सगळ्या लोकांक
जीवय गेल्यार आवैभास सोडूं नाकात ६८







स्वागत

(साळांच्या समारंभांच्या वेळार म्हणचें)

स्वागत हें तुमकां । मोगाचें । ध्रु. ।

आपोणें आयकुन ह्या गुरघालें
आगमनाचे कष्ट घेतले
आपलेपणान उपकार केले
होस दिली आमकां १

आगर तुमी ज्ञान-धनाचे
सागर केवळ प्रेमजळाचे
पोरसूं रोयलों सान रोप्यांचें
शिंपुन वाढोका २

बंदेपणाचो काळोख सरलो
स्वातंत्र्याचो दीस उदेलो
सूर्य एकाशी हस्ताक गेलो
मिति न हर्ष-शोकां ३

१७-२-४८.

गणपतीचि आरत

जयदेव जयदेव जय गणपति देवा
 भक्तिभाव धर्न करतां तुजि सेवा । ध्रु. ।

भारतमाता फाटीं आशिल्ली श्रेष्ट
 तुगेल्या दयेन विद्या - धन - पुष्ट
तीजेर आतां येव पडलां संकष्ट
 विघ्नेशा ! यो धाव करच्या तें नष्ट १

वीर विद्यावंत बुदवंत दाल्हे
 शूर सत्वशीळ कुशळ वावले
मस्त बैल आनी दूदाळ गायो
 धन-धान्य-दुभत्यांनी कोटयो भरताल्यो २

त्या देशाची आतां दुर्दशा जाली
 लोकांल्या माथ्यार अवदशा बसली
आळशी पीशे स्वार्थी मत्सरी जाले
 ल्हान होड हाण्ग झगडूंक लागले ३

भावाल्या नाशाक भाव सरसले
 शत्रूल्या सैन्याक सारथी जाले
ताणे नीसंतान दोगाळें केलें
 घरच्यांल्या भेदान परतयाळें



४



मनशाक मनशान अस्पृश्य केलें
 सुण्या–माजराकीय वींगान मानलें
त्या पापाचें फळ पदरांत पडलें
 पारखीयांलें दास्य नशिबांत आयलें ५

वीरांलें वंशज गुलाम जाले
 वेंचाल्या वेडयेक भूशण समजले
भांगरा–भूंय–पूत भीकारी जाले
 कीडयांवरी पडून कपाशीं मेले ६

राजून देवा! आमकां बुद्धी सूचना
 दुग-कलहाची संवय सूटना
हितालीत कांयी कोणा समजना
 जाल्ल्या दुर्दशेन चित्त शरमना ७

दौडल सो तूं आतां बैसुन घोड्यार
 दुंदुर कामा येना असल्या समयार
निर्बुद्धांल्या अंकुश घालंय ओडार
 आळशांक सोडान वडंय फाटीर ८

स्वातंत्र्याची ठोकुन वाजंय रणभेरी
 सडसडी सगळ्यांक जागे करतली
पाडग्यां--चांडाळांली छाती उडतली
 भक्तांल्या हरड्यांत फुराण भरतली ९

चाळिस कोटी सेना घे आपल्या पाठीं
  एकचारान सामर्थ्यी भर त्यांचीं माती
अज्ञानाचें रान खांडुन पाडलें
  स्वार्थाचे खडप फोडुन काडलें १०

द्वेषाची काटी लाखुन सोडलें
  उद्योगाचीं झाडां जैं थैं लायलें
भोगाचें उदाक वैल्यान शिंपलें
  आनंदाचें बाग तेन्नां फुललें ११

शांताराम मागता जोडून हात
  अन्न वस्त्र विद्या सर्वां मेळूंत
रोग शोक भय ना—शीं जावूंत
  शांति—सुखासैत सगळे रावूंत १२

२३–८–४६

सरस्पतीचि आरत

जयदेवी जयदेवी जय सरस्पती
बाल-भक्तांलागीं दी बरी मती ।ध्रु.।

शुभ्र तूजें आंग कुंदी-फूलांचें
शुभ्र तूजें रूप पुनवे-चंद्राचें
शुभ्र तूजें वस्त्र मोत्र लोणयाचें
शुभ्र सिंहासन सुंदर साळकांचें १

मांगल्याची मूर्ती तूं पावित्र्याची
निष्कलंक कीर्ती सकळां विद्यांची
शुद्ध भाव-भक्ती प्रेमळ भक्तांची
आकांक्षांची पूर्ती तूं विद्यार्थ्यांची २

तद्भक्तीची रीत सगळ्यां समजना
तूजें सत्य रूप मूर्खां उमजना
सांगण्यां-मागण्यांक तूं इल्लेंयी वळणा
धेय-दंडणांनी केन्नांयी धाळणा ३

वाडयां-जोयशांकडेन कोणी धांवतात
पुस्तकां फूलांनी कोणी पुजतात
अर्थ कळनास्तनां उत्तरां घोकतात
कोणी परीक्षेंत नक्कल काडतात ४

अज्ञानाची वाट ज्ञाना पावंयना
 दुःखाच्या पोटांत सुख जल्मना
रडटल्या रायाक वडती मवभला
 दुष्कर्मांन दैवी प्रसन्न जायना ५

अळीपेची न्हंय तूं मायेची माला
 ज्ञानाच्या दूदान पोसां वाढयता
हांसौन खेळौन शिष्यां शीकयता
 ध्येय बुद्धी मन तेजिष्ट करता ६

तुज्या साम्राज्याचो अनंत विस्तार
 विविध विद्यांचो तो अपार सागर
आनंदान करचो यथेच्छ वीहार
 विविध-वृत्तीच्यांनीं निजशक्त्यनुसार ७

काव्य-नाटकांचो सुंदर संसार
 गायन-नर्तनांचो कुळचो वीहार
चित्रण-शिल्प-कलांचो सोभित आकार
 बहुविध-शास्त्रांचोयी अतुल अवतार ८


सर्वान घडंयली भारतीची सृष्टी
 तळमळच्या जीवांची जाली ना तृप्ती
तुवें तीजी केली रोसाळ वृष्टी
 वायलांल्या गुणांची हावंयली हाती ९

दुःख-काळजेन विश्व करपलें
  जीव जेन्ना खान्ना मरण्याक उटले
तुवें काकुळटेन तांका वांचेयलें
  संगीतामृतान टचटची केलें १०

आनंदान तुवें बीन वाजेयलें
  ब्रह्मा विष्णु रुद्र नाचूंक लागले
देव दानवालें वैर वीसरले
  भूंयेन सर्गाचें स्वरूप धरलें ११

शांताराम बाळ करता बीनंती
  सगळ्यांचेर कर कोंवी वृष्टी
स्वार्थ द्वेष तंटे सगळे विसरूं दी
  स्वसेवानंदाची लागून धुंदी १२

२५-९-४६



होडिकारालें गाणें

व्हल्य व्हल्य गा व्हडेकारा। पावय लोकांक वेगीं घरा।ध्रु.।
हळगें हुळगें वारगें शिद्रूर। भैरें फेरवड मल्लापूर।
सगळ्या गांवचे गांवकार। वसल्याल आमच्या होडयेर १
सकाळिं घरसुन ऊटिल्ले। सांजे परतुन पावतले।
तोंडांत उदका-थेंबो ना। जीव खिणभर थांबना २
साते बाजार व्यारवारा। सादुन वतात मल्लापुरा।
तांदुळ केळीं विकतात। कांबळी कापडां घेतात ३
बाइल भुरगीं घरांत। वाट पळयतात दारांत।
बायलेक घोव मेल्लो। भुरग्यांक बापुर मेळटलो ४
भुरगे वतात शाळेक। परतुन येतात रजेक।
तांच्या गांवांत शाळा ना। थैंलें शिक्षण मेळना ५
सोयरे सोयऱ्यांक भेट्टात। धाण्णी हाण्णी करतात।
शानभोग आनी उग्राणी। वसुलेखातीर शेतधनी ६
रयत धनियाक ठकयता। धनी रयताक नागयता
चोरी आनी मारामार। तांच्याखातीर साक्षीदार ७
सगळे वतात कोर्टांत। थगीच लटें करतात।
पैसो वेळ सारतात। वकिलांलें घर भरतात ८
दुकणें जाल्यार पोरांक। घेवुन वतात शारांक।
गांवटी नकदां वीसरले। दागदारांलें घर भरलें ९

म्हूण चता तुम्माक। घरांत हाडता म्हक्लेक।
तांचें कल्याक मंगळ। आमची जाता चंगळ १०

सगळ्यांन वचचें पैल्यान। आमच्या होड्येवैल्यान।
आमची होडी थांबल्यार। रावले तांचे वेव्हार ११

बामण, वणी, चांवार। येतात आमच्या होडियेर।
व्हान ना होड ना जातीन। सगळे एकच जातात १२

भेद भाव काडेयले। सगळ्यांक एकठांय हाडयलें
देकून सगळ्या देशार। होडलो आमचो उपकार १३



हिंदमातेलो उपदेश

('मन शुद्ध तुझें' ह्या पदाच्या चालीर म्हणचें)

हिंदमाता खिन्न जाता सांगता पुतांक
आयका माका, एकमेकांत झगडाकात । अशी । ध्रु. ।

हिंदु मुस्लिं शीख तुमी एका कुळाचे
एके भुंयेर जल्मा आयले एका रूपाचे
अन्न खातात उदाक पितात एका गांवाचे
कोण मदीं भेद पाडी घात करूंक । तुमचो । १

एक सुर्य सर्व जगार वत पाडयता
एक पावस सगळ्या शेतांक पीक हाडयता
दुकळ आयल्यार सगळ्या लोकांक सारको रडयता
धर्म आनी जात तुमची कळटा कोणाक । माका । २

शेंकडो वर्सां एककडे मेळून राविल्ले
बाळपण एककडे खेळून काडिल्ले
जिवाखातीर जीव वेच्चार दीन वाडिल्ले
आतां मती फिरली कशी नाश करूंक । तुमचो । ३


भावभावांनी मार्न घेतल्यार मौज लोकांक
पोसवायल्यांनी वेगळें गेल्यार सूख कोणाक
हालपायांनी झगडें केल्यार घात जिवाक
शेजाऱ्यालया लावूं नाका उजो घराक । केन्ना । ४

बरे बरे देस काले पाड पाडयले
बापलीं-मुरग्यांक मारमाकून ठार करयलें
घरांदारांक जळोन ढळोन धुळींत मेळयलें
कोणागेलो फायदो कलो पळया मनांत । विचारा । ५

धर्म तुमकां दुष्ट अशे कर्म शिकयना
जात तुमचें मनीसपण नाश करयना
देव तुमकां भांवडांलो जीव घेवयना
तुमकां पिशें लागलें कशें कळना मनाक । मड्या । ६

दोन बैलां जोत केल्यार शेत पिकयता
शक्ति जोडाक युक्ति गेल्यार सिद्धि मेळयता
हिंदु मुस्लिं एक जाल्यार राज्य भोगयता
ऐक्य केल्यार बंदेपण पडता गळ्यांत । तुमच्या । ७

राम रहिम नाम स्मण साम करून
सत्य हिता चित्त दिया शुद्ध मनान
परस्परां साह्य करा सर्व तरेन
स्वराज्याचो पावंडो चडा हात हातांत । घालून । ८

कांड भात कांड, धुवे !

कांड भात कांड धुवे ! कांड भात कांड
कष्टान तुज्या संसाराचो चलंय बरो मांड १
हाता-रटे घट्ट तुजे घोळ्टात दिसूयभंर
तासेबगर कशीं चलत गरीबालें घर २
चोरी-मारी कर्न खावचें नाका पोळी-पीट
स्वकष्टाचो गोड लागता तुका पेजे-मीस ३
सांज-सकाळ काम तुका, होच तुजो खेळ
नाका जाल्ल्यो खचरो कल्लंक नाच तुका वेळ ४
घोळूं नाका आंग मोण्ग, खावूं जांवका चंड
तांकां लागून कष्टाळ्यांक जेवूं मेळणा धड ५
आळशि जाला, आयतें खाला, खूब भोगला भोग
देव ताका धाण्ण दिता दुःख-दिणें रोग ६
'काम करा पोट भरा' सांगणि देवाली
मानना ताका च्यास्त भोगला सासाय तागेली ७
नाजूकपणाक तोकल्ल्यो गिरेस्तांल्यो चल्यो
भेस तुजो सादो पळौन बोच्यो मुस्डील्यो ८
तरी तुजी माकुलवंली तांकां येवची
सभाविक सोंबपुडे करणेची फुकट ९



तांबडें तांबडें जांव कशें दिसता तुजें तोंड
उंबाळयेल गोरें-धवें सांवरीचें बोंड १०
बारीक कुंडो उण्ण ताजेर पातळ बसला पंर
पौडरिची घाण कशी करीत ताजी संर ११
समान आयले हुमे थेंब्र सोबीत कपाळार
देवान तुका माळ्ळो दिसता मोतियांचो हार १२
काळे गिडूं झुनेर तुजें मगेल्या मताक
रल्लो झाडच्या जरी—कापडापरस मोलादीक १३
तोंडातल्यान ' हूं हूं हूं हूं ' येता ताळ्यांत नाद
सतारीच्या बोलांबीन लागला तो सुवाद १४
मदें मदें गाणी सादी काडतात तुजो शीण
सिनेमांतल्या संगीताची गोडी सामकी हीण १५
फारान्तांगडां आपशीं बडला हालापायांचो खेळ
ताजेमुखार कसो सोबत कलवंतांचो मेळ १६
काम तुजें बंद करचें हाडलें जर मनांत
श्रीमंतांले रंग—ढंग थांचतले खिणांत १७
नांवाच्योच लक्ष्म्यो ल्यो आसात घरोनघर
तूंच खरी लक्ष्मी गो! तुज्यान भरता घर १८
तुज्या सारकी चेडवां सकळी देशाची संपत्त
देव तुजो भोग करता, हांसूं दी उन्मत्त १९



कुळवाड्याली काणी

कशि कनू घालूं गेण * । धनियां । कशि कनू घालूं गेण । ध्रु. ।
शेड्ल रोयलें व्हाळ गेलें पावसाच्या लोंढ्यान १
किल्लून पेयलें सावदान खायलें वेलभर जालें ल्हान २
नडच्या वेळार वाइल मजी थार पडली जोंयान ३
मगाच्या पावसान दगोंच केलो पोटऱ्याचेर ना जाग ४
कणशींच्याभीतर भोंवसळि पळ माडंयलें दुकरान ५
लुंवच्या होयळार पावस येयलो कुसून गेलें धान ६
‡ पोळिन भरलें खडळ शेताक वारें मारिल्यान ७
बैल नवो विकत घेयलो वागान खायलो मार्न ८
रीण काडलें तसेंच उरलें दुसरो घेउं खंयान ९
पोटाचि चिंता होडली आतां भुरगीं आसात ल्हान १०
धोळ-धोळ्यों चिकळांत लोळ्ळों गोरवांच्या आशेन ११
वतांत शिजलों पावसांत भिजलों काबळ्याच्या भाशेन १२
माळ्याक गेलों आडुल रोवलों रातीचो जागून १३
सगळें केलें फुकट गेलें सरना तें सांगून १४
आतां माका शेतच नाका घ्या तुमचें घोपून १५


---

* गेण = खंड

‡ शेत कणशींच्या वेळार आर्गिसरा रूक बी हाडलीत तर ताज्या दर्पाचो वारो लागून भात पोल जाता अशें म्हण्टात.

मोग

" नाका सिंतें मज्या बांगड्या येउं तूं वनांत "
" सोण्ण तुका रावुं कशी राजमहालांत " १
" जेवण मेळणा खाण मेळणा गोड थेरें थंय "
" जेवण चलना खाण चलना सर्व कोडू हंय " २
" रानटि फळां आनी मुळां कशी ख्कतली "
" तुजे खाशीं गोडापरस गोड लागतली " ३
" नेसूंक थिगा रुखां साली मोवाळ रसमां नात "
" त्याच सालीर नाजूक वाली रुखांक आलिंगतात " ४
" पावस-वाऱ्यांत कसो तुका आसरो मेळटलो "
" आसरो माका दुसरो नाका; तूं आसा, पुरो " ५
" गोरें गोमटें तोंड तुजें वतान बाव्तलें "
" हांगा उल्लयार तुज्या चितेन सुकून मरतलें " ६
" काट्या-खुट्यांत हातार तोंडार वरगे उट्टले "
" तेंच भांगर घालन आंगार चंद सोबतलें " ७
" गुंड्या-धोंड्यांत चलन तुजे पाय दुकतले "
" तुज्या मोगाळ नदरे-तेलान खिणांत पेकतले " ८
" वाग-शिंवांची बोब आयकून तूं भियेतली "
" तुका पळोन कळिकाळाची भीति पळटली " ९
" तान भूक काण्ण तुजो जीव गळटलो "
" तुजीं अमृत-उतरां पियेन पुनां फुलतलो " १०
" राती शियांत रुखा-पोंदांत तूं कुडकुडतली "
" तुज्या तेजाळ आंगा-ऊबेन थंडि उडतली " ११



स्वातंत्र्य-दिन

धन्य धन्य आनंदाचो दीस हो उदेलो
पुना सूर्य स्वातंत्र्याचो उदेलेक आयलो १

नष्टि पाड दास्यत्वाची रात सर्व गेली
जैंय थैंय उजवाडान भूंय ही फुलैली २

इंग्लेजांनि भौ-दीसांचें हातुळण कलकळें
हिंदभूचें काळ गेलें तोंड हें निवळ्ळें ३

ल्हान-व्होड आयलो दाळे खोसयेन भळें
खिल्लेल बागवळें माळें वैर उकवेळें ४

अपमान-यातनांचे दीस पार गेले
परकियांलें अधिकाराचें छत्र मोण्ण पडलें ५

जळ-स्थळ-आकाशाचे स्वामि आमी आतां
व्हडले व्हडले पराक्रम करूं स्फूर्त येता ६

घरोनघर तोरणां बावटे दिवे खूब लाया
गोड गोड पक्वान्नांनी पोट भर्न खाया ७

नमो टिळक-नेताजींक, नमो गांधिजींक
नमो वीर नेहरूजींक, नमो अझादांक ८

देशाखातीर जीव दिल्ल्या नमो हुतात्म्यांक
बंदखणींत कळवळिल्ल्या नमो समस्तांक ९


सत्याग्रही पुण्यात्म्यांले कष्ट फळा आयले
दया–शौर्य एकचारान राकूंक आमकां पायलें १०

अशोकाक, अकबराक, शिवाजीक स्मर्यां
तांचेवरी सद्धर्मांचें राज्य सदां कर्यां ११

त्याग, सत्य, समतेचो ह्यो पायो ह्या घराक
संसारांत शांती आनी सूख पातळांक १२

सूर्य–चंद्र आससर स्वराज्य हें तगूं
सगळेलि सगळी सूखा मुंयीचेर भोगूं १३

१५–८–१९४७

दुकां

(अंजनी गीत)

अय्यय्यो! हें कितें आयकलें। "गांधिजीक मार्ने उडयलें।
ताज्या आंगार गुळ्यांचो फार। कोणें तरी केलो" १
खरें काय ही फटास आयल। निदेंलले कीं सपन थायट।
न्हंय न्हंय रे ही खरीच गोष्ट। सगळे सांगतात २
खद्खद्चो लोखणाचो रोस। कानांत ओतलो भरसुन बीश।
विजेचो मार बसून मेस। माथ्याचें गेलें ३
संवसाराच्या मळावैलो। सूर्य लखलखी निवळ्ण पडलो।
वाट दाखैणो दिवटो गेलो। सगळ्या जगताचो ४
भारतमाता नशीब-हीन। देवान दिलें सुपुत्र-रत्न।
कठोर काळान व्हेलें म्हणुन। कर्माक रडता ५
सवायशीं वर्सां थांचलो विचार। तुवेंच केल्लो जगाखातीर।
कित्या वेजारलो इतल्याभितर। सांग मज्या बाप्पा ६
बंदखणीची यातना भोगल्लो। उपास काडुन जीव सुकयल्लो।
अखेर आपलो प्राणय दीलो। दुबळ्यांखातीर ७
बंदेपणाच्या गायरींतलें। फिरून जावन वळवळटालें।
मोगरासारके उडून गायलें। स्वातंत्र्याकाशीं ८
स्वातंत्र्याचो दीस उदेलो। हाणून काल्च उत्सव केलो।
स्वातंत्र्याचो वीर खरेलो। आज सोण्डून गेलो ९
भारतवासी अनाथ जाले। पटेल नेहरू [illegible] केले
संकष्टांत घांवन वतले। कोणाकडे आतां १०

सर्व जगा वश करपी मूर्त । प्रशांत तेजी मोगाळ दृष्ट ।
देवाळिं गांधी असलो परत । केला भेकटली ११
रे खुनमाऱ्या ! नीचा ! दुष्टा ! । अनंत जल्माच्या पापिष्टा ।
जगद्गुरु लावूल्या घेंपा । छिन्न करीं केलें १२
अजात शत्रू पुण्यात्म्यालो । तक्षका तुवें डावो घल्लो ।
जीव-दया-धर्मालो घेतलो । जीव अधर्मान १३
लक्ष युगींच्या पुण्याचेन । देवची असलो मूर्त जगान ।
हिंद-भूंयेचें भाग्य महान । खिणांत ना केलें १४
हिंदुत्वाच्या अभिमानान । केलें जरी हें अघोर कर्म ।
हिंदुपणाक असलो शरम । दुसरी ना हेवो १५
धर्म—जातिचो मत्सर सोडा । सर्वांशी इश्टागत जोडा ।
सत्य अहिंसा त्याग खऱ्या धर्मांचो गाभो १६
दिव्य अशी ही शिकोवण केली । आचरणाची देख दाखयली ।
जीव—उधोतय पणाक लायली । लोकोद्धाराक १७
भाव भावाली गोमटी मोडला । मैत्रीचो बी अश्रू घेता ।
पळोंक जायना देखून ताणें । मरणा आपयल १८
युद्ध सगळ्या पृथ्वीतेलो । बंद करींचो आटास केलो ।
सादना जावन गाराणें घेवन । देवाकडे गेलो १९
कीं विष्णूलो हो अवतार । ऐन आपलें काम जालेर ।
उरिलें सोपण आमचेखातीर । निजधामा चल्लो २०
कुडींत इतले दिस शिरकलो । आत्मो ताजो मोकळो जालो ।
संवसारभर सर्व जनांल्या । मनांत वसतलो २१

स्वतंत्रकाय! स्वतंत्रकाय!

स्वतंत्रकाय! स्वतंत्रकाय! । प्रताप तुजो असोच काय । ध्रु.।
इंग्लेजांनी राज्य चलंयलें । सगळ्या लोकांक गुलाम केलें ।
नोकरेक आमी वरिष्ट मानलें । सवंय अजुनी तशीच हाय १
अधिकाऱ्यांनी देवच केलें । चाकर जाले धनि धनियांलें ।
धनी मानापां-पायांर पडले । अजून चलता उलटो न्याय २
अम्मलदार तांच हटंयना । स्वार्थखातीर दिलो दीला ।
पयलो दाळो थयीच रावला । म्हूणटा माका किल्याक जाय ३
जातीजातींत द्वेस वाडंयलो । परसत्तेचो जोर चडंयलो ।
लोकहिताचो जीव काडंयलो । तें विश आतां मरूंक जाय ४
दिसानदीस व्हारगाय वाडटा । सगळी जनता हाय हाय करता ।
खोट्या निमित्तान दर चडटा । वेपारि असलो सरूंक जाय ५
काळ्या बाजारान दुड्डू मेळटा । राज्याक दिवचो कर चुकता ।
लटको हिशोब हजर करता । गांधी टोपी बोडार आय ६
कांग्रेसाच्या पदार चडता । समाज-सेवा साफ विसरता ।
सुवालें सादूंक धुडधुड करता । स्वदेश-भक्ती अशीच काय ७
सर्व जगाचें अन्न चलंयता । तो कुळवाडी उपाशि मरता ।
देखून सरकार कायदो करता । विरोध ताका करचो काय । ८
सरकारान कायदो केलो । ताजो फायदो घेवचो सोडलो ।
उपकाऱ्याचेर रयंत उठलो । आपल्या पायांर घालला घाय ९
आमीच सरकार कामाक नेमलें । आमीच ताजे कायदे मोडलें ।
आलें पर आपणेंच फोडलें । पिशेपण असलें करचें काय १०


सरकार येना विलायतेन । पाताळ किंवा पळर्वातल्यान ।
सरकार येता आमच्या मतान । आमीच ताका पोसूं जाय ११
न्हंय रे ! बाबा ! सरकार परकें । काळें गोरें आमच्यासारकें ।
पाडगें जाल्यार आमचें भुगें । आमीच ताका जबाबदार १२
सरकारान सगळें करचें । लोकांनिं सुस्त निदून रावचें ।
मानना जाल्यार तोंडभर सोवचें । आमकां सोवना श्या बेव्हार १३
जणएकल्याल्या मागणेसारकें । ब्रह्मदेवाकूय सादना करचें ।
भाजाणाले सूख पळोवचें । एकदोगांलें चलना कांय १४
सरकार आमचें नोकर आसचें । सरकाराचें बळ तें आमचें ।
आमीच ताका घटमुट करचें । निसलंक कावना हें केन्नाय १५
गांव सुखी तर आपल्याक सूख । एकच होडियेंतले लोक ।
होडी गेल्यार न्हंये-तळाक । घराक पावतील कोणी कांय १६
आपलो देश वेर चडोवचो । ताजेखालीर जीवय दिवचो ।
सुखालें थोडो फाटी दवरचो । अशें शिकतले केन्ना कांय १७
सेकड्यांनीं स्वराज्य घेतलें । शत्रू ताजेर तुटून पडले ।
अजून आमचे दोळे उघडले–। घातच जातलो ना जाल्यार १८
म्हणून सगळे कंबर बांदा । एकचारान निजहित सादा ।
विसरा हलक्या-व्हडल्या भेदां । करा आवैलो जयजयकार १९
गांधीजीच्या पुण्यायेन । हिंदपुतांच्या बलिदानान ।
हाताक आयलें स्वतंत्रपण । बाळगून भोगा धरतां पांय २०

१५-८-१९४८

पिंवू नाका बाबा! सोरो

पिंवू नाका बाबा! सोरो। घाणकुरो घातमारो। ध्रु.।
पैसल्यान घाण येता। लागीं गेल्यार ओकूं जाता।
पोटांत घाल्यार माते फिरता। असलो सोरो किश्या पिता १
उलौं गेल्यार जीब येना। चलूं पांय समा पण्णा।
गटारांत लकून पडता। सुणीं मुतांन लोळूं लागता २
लोक पळौन छिथू करतात। लागीं गेल्यार धुंकळण घालतात
बाटेबैलीं पोरां मेळून। 'बें बें बें बें' चाळौन हांसतात ३
सुद्ध वता बुद्ध वता। लाज वता बळ वता।
पैसो वता भीक येता। सुण्पापाष्ट जीण जाता ४
केदो व्हडलो जीव तुजो। नांव गांव मेळौचो जो
कुंच्या-पाष्ट केलो कसो। घरादारार पडलो उजो ५
बायल भुरगीं उगडि पडल्यात। दीस रात रडून काडतात
कपाळार वडौन घेतात। तुज्या नांवान बोब मारतात ६
घर नाका दार नाका। बायल नाका भुरगें नाका।
एक सोरो जाय तुका। ताजेखातीर बाटुन वता ७
आपलें जाता सर्व ना-शें। लोकांकडून येता [illegible]
पिंवू भेळणा पेजेनिशें। सोड बाबा! सोऱ्या [illegible] ८
काळकूट वीश बरें। जीव ताणें मरता बरें।
सोरो हल्लो सोरोप बाबा!। ताज्यापरीस [illegible] ९





बीश काडता प्राण खरो । जिब्बागडा अत्रु सोरो ।
विशान वता एक जिणें । कुटंबाक नाश होणें १०
एक घोट एक येलो । भिडेखातीर जिवे लायलो ।
हळू हळू वाटलि पिलो । ताका लागून जीव गेलो ११
मजेखातीर सूरू केलें । तेंच मागीर जिवार आयलें ।
चुकून जरी जाळ्ांत गेलो । परत येना मासो मलो १२
भौन भौन सांगता तुका । सोऱ्यालागी वचूं नाका ।
नांव दुडू जीव राका । अशें केल्यार पावशि सुखा १३

८-९-१९४८



चुकांवळ

फकलां वाचप्यांक पैलीं नदरचुकेन उरिल्लो सकल दिल्ल्यो चुको दुरुस्त करुन घेवच्यो.

पृष्ठ	वळ	चूक	सारकें
२	८	वेंचें	वेंचें
३	६	नव्हीं-माटां	नाल्ला-माटां
५	८	पावस	पावस
८	११	शिपुंन	शिपुन
११	१	भाता	भात
,,	४	ह्यरा-रेंटे	ह्याला-रेंटे
२१	१३	घोळ वाह्लो	घोळ-घोळ्टों
,,	१८	गथा	गेथा
२२	१६	गुंड्या-घोड्यांत	गुंड्या-घोंड्यांत
२४	६	हे घराक	ह्या घराक
२६	१६	आपयळ	आपंवळें
२८	६	सोन्नच	सोभचें
,,	८	ग जाणालें	भा जाणालें
,,	१०	घठमुट	घटमुट
,,	२०	पडतां	धरतां

Please Note: Corrections already made in the present print. However, this page has been printed for information purpose only

कोंकणी बरपावळ

		रु. आ.
कोंकणी भाशेचें जैत (शणै गोंयबाब)		१-४
गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक	,,	१-१२
गोमंतोपनिषत् (पैलें खंड)	,,	१-०
,, (दुसरें खंड)		१-८
मुरग्यालो इष्ट	,,	०-६॥
झिलबा राणो	,,	०-९
मोगाचें लग्न	,,	०-१२
पुण्यात्मो रामकामती	,,	२-८
कोंकणी नाद्‌शास्त्र	,,	०-५॥
आंवे फारीप	,,	०-६
कोंकणी मुळावें पुस्तक	,,	०-१०
मुरग्यालें व्याकरण	,,	०-१२
येवकार अध्यक्षालें उलोवप	,,	३-०
दामू कुराडो (आचार्य रा. शं. नायक)	,,	०-६
मुरग्यालो वेद (पैलो वांटो)	,,	०-१०
ओंवळ्यां	,,	०-८
भगवद्गीतासार (पंडित मं. रा. तेलंग)	,,	०-८
कोंकणी परिषदेचे तिसरे बसकेची खबर		०-८
सड्यावेली फुलां (गितां)		०-८
खाचक्यां-करंड (शां. वि. कामत)		०-६

Please Note : No guarantee is given about availability of these publications.
However, this page is printed for information purpose only.

Printed by E. A. Shaik at his Mohammedan Press, Karwar.
& Published by Muzumdar & … Konkani …



This is the earlier name of the present Syndicate Bank that had its third Branch in Karwar. Incidentally, they are our present sponsors also.

Karwar in 1956

Karwar : 54 years later ......

Karwar in 2010

[illegible] Karwar in 1956

[illegible] Karwar in 2010

Karwar in 1956

Karwar in 2010

Karwar in 1958

Karwar in 2010

[illegible] Karwar in 1955

[illegible] Karwar in 2010

Kanwar in 1955

Kanwar in 2010

Shri S. M. Shanbhag
Rtd. Teacher, Karwar

Goa Andolan (18th August 1954) (Photo by : S. G. [illegible] Art Studio, Karwar)
Shri S. M. Shanbhag, now Retd. Teacher, Karwar (inset present photo) in his early thirties can be seen among others at the right end at Polem Goa, Karnataka Border.
Later Goa got its freedom from the Portuguese on 19th December 1961.



Shri Madhav S. Kamat
(Present Publisher
of the Book.)

"KONKANI POEMS [illegible] [illegible]ASED"


On Konkani Sahitya Sammelana D[illegible] [illegible] 24th April

Shri K.T. Rai, UGM, Syndicate Bank releasing [illegible] [illegible] by (from [illegible] [illegible]y S. Shanbhag, Mrs. Sandhya Raikar (Grand da[illegible]), Shri K[illegible] Shri T. Mohan Rajan, Regional Manager, Shri [illegible] [illegible] Lead District [illegible] [illegible]er and Shri Shivanand D[illegible] [illegible]anager

BANK'S BUILDING AT KARWAR SYNDICATE BANK Karwar in 1958







BANK'S BUILDING AT KARWAR (BRANCH & [illegible]







Karwar in 1956








Karwar in 2010

BAITKOL BEACH

Karwar in 1956


Karwar in 2010

BAITKOL BEACH



[illegible] – CONFLUENCE OF RIVER "KALI"
AND THE SEA – ARABIAN

Karwar in 1958



Karwar in 2010

[illegible] – CONFLUENCE OF RIVER "KALI"
AND THE SEA – ARABIAN